# <u>वेवसायिकांखातीर वखदां दर नियंत्रणाचेर जाग्रृती कार्यशाळा</u>

ता.15 मार्च 2018

24 फाल्गुन 1939

अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयान अड्ड्जउक्ऋअच च्या जोड पालवान ता. 16 मार्च 2018 दिसा सकाळी 9.30 ते सांजेच्या 5.00 मेरेन हॉटेल फिडाल्गो पणजी हांगा सगळ्या संबंदीत वेवसायिकांखातीर 'वखदां दर नियंत्रण' विशयाचेर एका दिसाची कार्यशाळा आयोजीत केल्या. ही कार्यशाळा केंद्रीय फार्मास्युटिकल विभागाच्या राष्ट्रीय वखदां दर नियंत्रण प्राधिकरणान पुरस्कृत केल्या. भलायकी मंत्री श्री. विश्वजीत राणे हांचे हस्तूकीं मुख्य सचिव श्री. धर्मेंद्र शर्मा आनी हेर अधिका-यांच्या उपस्थितीत कार्यशाळेचे उक्तावण जातले.

कार्यशाळेत वखदां दर नियंत्रण तजवीजांच्या अंमलबजावणीचेर चर्चा जातली. लोकांक योग्य आनी सवाय दरान वखदां उपलब्ध करप हो राष्ट्रीय वखदां दर नियंत्रण प्राधिकरणाचो मुळावो उद्देश आसा. एफ डी ए, महाराष्ट्राचे निवृत्त जोड आयूक्त श्री. एस. डब्ल्यू. देशपांडे, गोमॅकॉ च्या फार्माकॉलोजी विभागाचे मुखेली डॉ. पद्मनाभ रातबोली, हिंदू फार्मासीचे श्री. राज वैद्य आनी वखदां दर नियंत्रण प्राधिकरणाचे अधिकारी राज्य वखदां नियंत्रण विभाग, भलायकी खाते आनी हेर वेवसायिकांक वखदां दर नियंत्रणाच्या वेगवेगळ्या तजवीजांचेर आनी वखदांची उपलबधता आनी दरांविशी मार्गदर्शन करतले.